**राज्याच्या सर्वांगीण विकासाखातीर सरकार कटीबद्द आसा- श्री. रवी नाईक**

ता. 19 **डिसेंबर** 2022

समाजातल्या निमाण्या मनशामेरेन कल्याणकारी येवजणो आनी साधनसुविधा पावोवन राज्याचो सर्वांगीण विकास करपाक सरकार कटीबद्द आसा, अशें कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक हांणी आयज फोंडेच्या क्राती मैदानाचोर आयोजीत गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो उपरांत उलयतना सांगलें.

सुरवातीक श्री. नाईक हांणी क्राती मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुश्पचक्र ओपून गोंय मुक्ती चळवळीतले स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.

फुडें उलयतना श्री. रवी नाईक हांणी गोंय मुक्ती खातीर स्वातंत्र्या सैनिकांनी केल्ल्या त्यागाचो उगडास करून तांच्या त्यागाक लागून आयज आमी आमचो आनी राज्याचो विकास करपाक शकले, अशें सांगले. राज्य सरकार प्रत्येक मळार जाव मागीर ते शिक्षण, भलायकी, साधनसुविधा आनी हेर मळार विकासाचे काम करता. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखालच्या केंद्र सरकाराच्या सहकार्यान राज्यांत मोपा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ, नवो जुवारी पूल आनी हेर प्रकल्पांची कामा चालू आसून हांलीच मोपा आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या पयल्या टप्प्याच्या कामाचे उक्तावण जाला, अशें तांणी सांगलें.

सुवाळ्याक अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. विशाल कुंडईकर, उपजिल्हाधिकारी श्री. सिताराम सावळ, पुलीस उपअधीक्षक श्री आशिष शिरोडकर, एनआरआय आयुक्त श्री. नरेंद्र सावईकर, स्वातंत्र्य सैनिक, नगरसेवक, जिल्हा पंचायत वांगडी आनी विद्यार्थ्यी उपस्थित आशिल्लें.

कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक हांका सुवाळ्याच्या थळार उपजिल्हाधिकारी श्री. सिताराम सावळ, पुलीस उपअधीक्षक श्री आशिष शिरोडकर, एनआरआय आयुक्त श्री. नरेंद्र सावईकर हांणी येवकार दिलो.

ह्या वेळार वेगवेगळ्या शाळांच्या विद्यार्थ्यानी देशभक्ती गीतां सादर केली.

श्री. गिरीष वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/798

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji